आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :10 /06/2025    7.20 p m

प्रादेशिक  खबरो

Rashmi 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या 11 वर्सा कार्यकाळाच्या सरकारान देशाक स्वच्छ भारतासयत भ्रश्टाचारमुक्त भारत दीला अशे विधान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.मोदी सरकाराक 11 वर्सा पुय जावपाच्या फांटभुयेर आयोजीत पत्रकार परीशदेत ते उलयताले.

सेवा,सुशासन,गरीब कल्याण,विकसीत भारत,सर्वोदय,अंत्योदय आनी ग्रामोदयाक मोदी सरकारान ह्या 11 वर्सात महत्व दीला अशे गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामु नायक हांणी म्हणला.

प्रधानमंत्री जन मन येवजणेवरवी पेडणे आनी निरंकाल वाठारातल्या वानमाऱ्यांक समाजिच्या मुख्य प्रवाहात हाडपाक गोंय सरकार काम करतले अशी घोशणा मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणीृ केल्या.पणजे भाजप मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवळार ते उलयताले. स्वच्छ भारतावांगडांच भ्रश्टाचार मुक्त भारत करपाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीन महत्व दीला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.गोंयच्या आदीवासी समाजाच्या उदरगतीच्या नदरेतल्यान लेगीत सरकार काम करता अशे तांणी म्हळा.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हस्तक्षेप केल्या उपरांत गोय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्या दोतोरांनी पुकारील्लो संप आयज फाटी घेतला. आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गोमेकाॅत वचुन डीन शिवानंद बांदेकार, तशेंच दोतोरावांगडा दनपरा  बसका घेतली.ह्या बसके उपरांत आता दोतोरानी संप फाटी घेतला अशे गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाचे  डीन  धोतोर शिवानंद बांदेकार हांणी जाहीर केला. गोंय  वैजकीय म्हाविद्यालय हाॅस्पीटलाच्या दोतोरांनी दवरील्लो सात  मागण्यो मुखेलमंत्र्यान मान्य केल्या.हांतुन गोमेकाॅच्या वाठारात आशील्ल्या पुलीस outpost एक पुलीस उप निरीक्षक नेमप, तशेंच

हाॅस्पीटलाच्या वाठारात 50 पुलीस शिपिय नेमप, भलायकी सचीवाच्या अध्यक्षतायेखाला खासा दक्षता समीती स्थापन करप,तशेंच हेर मागण्यांचो आसपाव आसा.भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी गोमेकाॅचै दोतोर रूद्रेश कुट्टीकार हांका दुयतीक बरी वागणुक दींवक ना म्हण दोन वर्सा नीलंबीत करपाचे म्हणील्ले .ते उपरांत गोय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्याा दोतोरांनी भलायकी मंत्र्यान दोतोर रूद्रेशाची माफी मागची अशी मागणी करीता 48 वराची सरकाराक मुजत दील्ली. ते उपरांत आता आयज मुखेलमंत्र्यान हस्तक्षेप केल्याउपरांत दोतोर्रिंनी संप फाटी घेतला.Byets

गुन्यांवांच्या तपासांत ह्यान फुडें गोंय पुलिसां वतीन चडांत चड प्रमाणांत तंत्रज्ञानाचा वापर जातलो. तंत्रज्ञानाच्या वापरांत हेर राज्यांचे तुळेंत गोंय कायमचें मुखार उरतलें अशें प्रतिपादन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केलें. पुलीस मुख्यालयांत मुखेलमंत्र्यां हस्तुकीं स्पॉट द स्कॅम आनी रेडीकल कंटेन्ट एनालयजराचें उक्तावण केलें. हीं दोनूय उपकरणां बिटस पिलानीच्या विद्यार्थ्यांनी तयार केल्यांत.

पश्चीम विभागीय राज्यांचे बसकेंत केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हांणी रेडीकल कंटेन्ट एनालायजरची तोखणाय केल्ली. हेर राज्यांय ह्या उपकरणांचो वापर करतले. आयज सगल्याच मळांचेर तंत्रज्ञानाचो वापर जाता. गुन्यांवकार लेगीत तंत्रज्ञानाचे मजतीन गुन्यांव करतात. गुन्यांवांचेर नियंत्रण दवरपा वांगडा गुन्यांवकारांक धरपाक आतां तंत्रज्ञानाच्या वापरा बगर हेर पर्याय ना, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. पुलीस महासंचालक आलोक कुमार तशेच हेर पोलीस अधिकारी हे वेळार हाजीर आशिल्ले.

प्रसाद 110

भुरग्यांक ल्हान पिरायेचेर योग्य संस्कृताय मेळप म्हत्वाचें. संस्कृतायेक चड म्हत्व आसा. नवे पिळगेंत भारतीय संस्कृतायेचें बीं रुजोवपाच्या हेतान संत समाज सांगे आनी स्वामी ब्राहमानंद संस्कृत पाठशाला हांच्या सहकार्यान सांगेत एक दीस बाल संस्कृती शिबिर आयोजीत केलो.ह्या वेळार सांगे दिनेश भंडारी, संत समाज सांगेचो अध्यक्ष महेश रायकर, रामा रेडकर, एकनाथ नायक, डॉ दिव्या भंडारी, नागेश नायक, देवानंद तारी, मैदिनी मोरस्कर, नरेंद्र बोरकार ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.ह्या शिबिरांत वट्ट 55 विद्यार्थ्यांनी वांटो घेतिल्लो. ह्या वेळार भुरग्यांक हरिपाठ, पसायदान, योगासन, श्लोक, वेगवेगळे खेळ, भलायकेची जतनाय कशी घेवची हें शिकयलें. शिक्षक डॉ दिव्या भंडारी, देवानंद तारी, रामा रेडकर, महेश रायकर, नरेंद्र बोरकार हे हजर आशिल्ले.ह्या कार्यक्रमाचें संयोजन दामोदर सालगावकार आनी एकनाथ नायक हांणी उपकार मानले.

पेडण्या मांद्रे मतदारसंघातल्या मधलावाडो हरमल वाठारात घुवळी वखदिंचो वेव्हार करपी 3 स्वीडीश नागरीकांक गोय पुलीशेन अटक केल्या.फाटल्या दोन वर्सासावन visa शिवाय हे नागरीक बेकायदेशीर पणान हरमलात राबीतो करताले अशी म्हायती घुवळी वखदा विरोधी विभागाची पुलीस अधिक्षक सुनीता सावंत हीणे दील्या.ह्या धाडीन संबंधीत स्वीडीश नागरीकांकडल्यान पुलीशेन 2 कोटी 59 लाख 65 हजार रूपयाची घुवळी वखदा जप्त केल्यात.हांतुन 2.5 कोटी रूपयाची 24.8 ग्राम LSD liquid,7 लाख रूपयाचो70 LSD papers, 2.5 लाख रूपयाचे catamine liquid आनी 15 हजार रूपयाचे 1.5 ग्राम catamine powder पुलीशेन जप्त केल्यात.पुलीस हे वीशी फुडलो तपास करतात.

गोंय पुलीशेचो घुवळी वखदा विरोधी पंगडावतीन आंतरराश्टीय घुवळी वखदां दीसाच्या फांटभुयेर घुवळी वखद मुक्त गोंय,goa agianst narcotics ह्या संकल्पनेचेर आधारीत 22 जुनाक 10 कीलो मीटर मेराथाॅन रन चे आयोजन केला.बांबोळे श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमाकडल्यान ही मेरिथाॅन सर्त सुरू जातली अशी म्हायती घुवळी वखदा विरोधी विभागाची पुलीस अधिक्षक सुनीता सावंत हीणे पणजे पुलीस मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दील्या.

ह्या सर्तीत गोंय पुलिस,नौदळ,लश्कर,Crpf,तशेंच सर्वसामान्य जनता अशे मेळुन वट्ट 1 हजार सर्तक वाटो घेतले. ह्या मेराथाॅनात वाटेकार जावपाक इत्सुक आशील्ल्या मनशांनी गोंय पुलीशेच्या संकेतस्थळाचेर वा गोवा पुलीशेच्या ट्वीटर अकाउंटाचेर वचुन नावनोंदणी करप गरजेचे आसा.हे शिवाय 5-10 यत्ताच्या विद्यार्थ्यांखातीर online slogan competition तशेच चित्रकला सर्तीचे आयोजन केला.

हे शीवाय 26 जुनाक गोंयच्या सगळया शाळांनी आनी म्हाविद्यालयांनी घुवळी वखदाअड आनी घुवळी वखदांचो भलायकीचेर परीणाम ह्या वीशयाचेर नाटकुल्यांची सर्त गोंय पुलीशेन आयोजीत केल्या.

भारत सरकारच्या पत्र सूचना कार्यालय तसेच प्रसारण मंत्रालया खालाचलपी आकाशवाणी दूरदर्शन तसेच वांबोळीच्या एचपीटी आकाशवाणीच्या जोडपालवान सगळया अधिकारी आणि कर्मचाऱ्यांखातीर आंतरराष्ट्रीय योग दिस 2025 च्या निमतान 12जुनक एक सामूहिक योग दिसाची कार्यावळ घडून हाडटले

. ही कार्यावळ  पणजीच्या इन्स्टिट्यूट ऑफ मॅनेनझिस  Braganza सभा घरात सकाळच्या नऊ जाऊन 45 वराचे जातली . कार्यावळीत जाणकार योगपटूकडल्यात प्रात्यक्षिकां आणि  मार्गदर्शन जातले . हे कार्यावळीक   संबंधित अधिकारी आणि कर्मचाऱ्यांनी हाजीर रावचे असे आवाहन प्रशासकीय अधिकाऱ्यांनी केला.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आज  राज्यात उष्ण आणि दमट हवामान आशिल्ले . तशेच चडशा सुवातींनी मध्यम पावस पडला

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण  पणजीत  चडात चड 32.6   सेल्सिअस तापमान नोंद जाला जालयार उण्यात उणे 25.5 डिगरि सेल्सियस तापमाननाची नोंद जल्या .

तिसवाडी तालुका बुद्धिबळ संघटनेन गोय बुद्धिबळ संघटनेच्या जोडपालवान गोंय  राज्य खुल्या रॅपिड बुद्धिबळ सर्त  आयोजीत  केला.  हि सरत 14 आणि 15 जून मजगत पणजीच्या इन्स्टिट्यूट braganja सभागृहात जातली. सर्दीत वाटेकर जावपी इच्छुक खेळगड्यांनी दत्ताराम पिंगे ९८२२१५७२०८ वा अरविंद महामल ह्यांचेकडे संपर्क 12जून पायली करचो अश सांगला 140जून दनपारा 2.30 वराचेरा सर्त सुरू जातली

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या

नमस्कार